Akashwani Panaji 1st July  2026 National news 8.40 am

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल  नवी दिल्लींतल्या सेवा तीर्थ हांगा जायत्या मंत्रालयांच्या वेगवेगळ्या सचीवां कडेन संवाद सादलो.

* आयज देशभारांत राष्ट्रीय दोतोर दिस आनी सनदी लेखापाल म्हल्यार chartered  accountant दिस मनायत्ता

* केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी भारत-ग्रीस अर्थीक संबंद घटमूट करपा विशीं चर्चा केल्या.

* केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री dr मनसुख मांडवीय हांणी नवी दिल्लींत जाल्ले कर्मचारी राज्य विमो म्हामंडळाचे एकशे अठ्यानाव्या बसकेचे अध्यक्षपद सांबालले .

शिवराज 80

कृषी क्षेत्राचो विकास केल्याशिवाय 'विकसित भारता'चे सपन साकार जावुंक शकना अशे केंद्रीय कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी भर दिला. हरियाणात हिसार हांगा आयोजित 'खेत बचाव अभियाना'च्या समारोप समारंभात उलयताना चौहान सरकार एका अशामोबाईल एपच्या निर्मितीर काम करता जाचेवरवी माती आणि ता का आवश्यक आशिल्या खतांच्या प्रमाणाबाबत माहिती उपलब्ध जात ली अशे तानी सांगले . त्यांनी शेतकऱ्यांक आवाहन केले की, जमिनीचो कस टिकोवन दवरपाक त्यांनी शेतात खतां आणि कीटकनाशकांचो वापर

संतुलित प्रमाणात करचो तसेच, त्यांनी शेतकऱ्यांक सेंद्रिय शेतीचो अवलंब करपाचो सल्लोय दिलो. Byte

**RAILWAYS-OFC PROJECT**

भारतीय रेल्वेन दक्षिण उदेंत रेल्वे क्षेत्रात सुमार २०० कोटी रुपया खर्च कर्रुन उरिल्ल्या ४८-फायबर ऑप्टिकल फायबर केबल (OFC) बसोवपाच्या प्रस्तावाक मान्यताय दिल्या.ह्या निर्णयाका लागून देशातल्या रेल्वे नेटवर्कची डिजिटल दळणवळण यंत्रणा (डिजिटल कम्युनिकेशन बॅकबोन) घटमूट जातली.ह्या प्रकल्पांतल्यान आग्नेय रेल्वेच्या चार मुखेल विभागांतल्यान 1,600 मार्ग किलोमीटर अंतराचेर 48 फायबर ओएफसी जोडणी मेळटली. हाकालागून रेल्वेची सुरक्षित, कार्यक्षम आणि तंत्रज्ञानाचेर आधारित कामकाज प्रणाली चालोवपी दळणवळण जाळे आनीक घटमूट जातले.

Doctors/ ca day

भौशीक भलायकेची राखण आनी सुदारणा करपाक दोतोरांचो समर्पण, करुणा आनी अमूल्य योगदानाचो भोवमान करपा खातीर आयज देशभरांत राष्ट्रीय दोतोर दीस मनयतात. भारतांतले एक मानदीक वैज dr बिधान चंद्र रॉय हाचो उगडास करपा खातीर दर वर्सा जुलयाच्या पयल्या दिसा हो दीस मनयतात. मजगती देशभरांत आयज अत्ठ्यात्तर्वो राष्ट्रीय सनदी लेखापाल म्हल्यार चार्टर्ड अकाउंटंट (सीए) दीस मनयतात. हो दीस अर्थीक पारदर्शकता, आनी अर्थीक वाड हातूंत चार्टर्ड अकाउंटंटांनी केल्ल्या म्हत्वाच्या योगदानाचो उगदास करून दिता. उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन नवी दिल्लींतल्या विज्ञान भवनांत मुखेल सोयरे म्हूण वांटो घेतले.

109 pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल  नवी दिल्लींतल्या सेवा तीर्थ हांगा जायत्या मंत्रालयांच्या वेगवेगळ्या सचीवां कडेन संवाद सादलो. हे चर्चेंत दोन मुखेल विशयांचेर भर दिल्लो. पयलो म्हळ्यार इज ऑफ डूइंग बिझनेस आनी ईज ऑफ लिव्हिंग हांचे खातीर हेर सुदारणा जाल्यार दुसरी आत्मनिर्भारताचो प्रचार.हे बसकेंत प्रधानमंत्र्यानी  पुराय सरकाराची पद्दत आपणावपचेर भर दिलो. एकत्रीत नियोजन आनी समन्वयाचे म्हत्व उक्तें करून तांणी आंतर विभागीय समन्वय आनी माहितीपूर्ण निर्णय घेवपा खातीर एक प्रभावी माची  म्हूण पीएम गतिशक्तीचो व्यापक वापर करपाक प्रोत्साहन दिलें.

Ram act 190

रोजगर आनी अजीविका मिशन (ग्रामीन) खातीर विकसित  भारत-गॅरंटी [व्हीबी-जी रॅम जी] कायदो, 2025 आयच्यान भारतभर गांवगिऱ्या वाठारांनी लागू जातलो. दर एका अर्थीक वर्सा 125 दीस पगार रोजगाराची हमी दिवपी ह्या  कायद्या वर्वी  ग्रामीण भारताक सशक्त करतले अशें ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान सांगलां. देशभरांत नव्या चौकटीची कार्यक्षमताय करपा खातीर चालू अर्थीक वर्सा पंचाण्णव हजार ,सॅशे ब्यांनव  कोटी रुपयांची तरतूद केल्या अशें  कळयलां.वीबी-जी रॅम जी कायदो वीस वर्सां पोरन्या महात्मा गांधी राष्ट्रीय ग्रामीण रोजगार हमी कायदो (मग्नरेगा), 2005 च्या जाग्यार आयला.ह्या कायद्याचो हेतू वित्तीय वर्सा कायदेशीर रोजगार हमी शंबर दिसां वयल्यान एकशें पंचवीस दिसां मेरेन वाडोवपाचो आसा.

Goyal 94

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी अर्थीक सेवा, फिनटेक, डिजिटल फारीकणी, आनी तंत्रगिन्यानांत सहकार्य वाडोवन भारत-ग्रीस अर्थीक संबंद घटमूट करपा विशीं चर्चा केल्या. तांणी ग्रीसाचे अर्थमंत्री Kyriakos Pierrakakisकडेन भेट घेतली. तशेंच दोनूय वटांनी भारतीय आनी ग्रीक वेवसायमदीं सहकार्याचे मार्ग सोदून काडले. तशेंच मंत्री गोयल हाणी ग्रीक मुळावी साधनसुविधा आनी येरादारी मंत्री Christos Dimasक मेळून मुळावी बांदावळ, येरादारी जोडणी, दर्यावेल्या क्षेत्रांत, विमान येरादारी, आनी शाश्वत हालचालींतल्यान भारत-ग्रीस सहकार्याचेर भासाभास केली. लवचीक पुरवण साखळी तयार करपा खातीर आनी भारत आनी युरोप हांचे मदीं जोडणी आनीक घटमूट करपा खातीर सहकार खोलायेन करपाची तांची आस्त बाळगिल्ली.

द्विवेदी 70

भारतीय लष्कराक आपली ताकद खंयच्याय एका व्यक्तीकडच्यान न्हय, तर सैनिक, कमांडर, माजी सैनिक, त्यांचे कुटुंबीय आणि देशातले नागरिक हांच्या अढळ विश्वासातल्यान मेळता असे प्रतिपादन लष्करप्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी यांनी केले. नवी दिल्ली 'चीफ ऑफ आर्मी स्टाफ' (लष्करप्रमुख) या पदाचो कार्यभार सोडताना त्यांनी हे विचार मांडले. Byte 2

चार दसकां परस अधिक काळ भारतीय लष्करात सेवा दिवप ही आपल्या खातीर सगळ्यात व्हड भाग्याची गोष्ट थारली हाचेर त्यांनी भर दिलो. Byte १

Mandviya 120

केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री dr मनसुख मांडवीय हांणी नवी दिल्लींत जाल्ले कर्मचारी राज्य विमो म्हामंडळाचे एकशे अठ्यानाव्या बसकेचे अध्यक्षपद सांबालले . बसके वेळार  भलायकी जतनाय मुळावी बांदावळ घटमूट करप, वैजकी शिक्षण वाडोवप, संघटनात्मक कार्यक्षमताय आनी सेवा दिवपांत सुदारणा करप ह्या उद्देशान जायत्या मुखेल मुद्द्यांक  मान्यताय मेळ्ळी. विमोकृत व्यक्तीं खातीर बेकारी भत्तो येवजण अटल बीमित व्याक्ति कल्याण येवजण फाल्यां सावन फुडल्या वर्सा 30 जून मेरेन वाडयल्या.येवपी आनी नव्यान सुरू केल्ल्या ईएसआय हॉस्पिटलांचें आतां ईएसआयसीन थेट वेवस्थापन करतले, जाका लागून प्रमाणीत, कार्यक्षम आनी उच्च दर्जाची भलायकी सेवा सुनिश्चीत जातली. तशेंच ईएसआयसीच्या भलायकी सेवा दिवपाचे पद्दती भितर आयुष सेवांचें एकीकरण, प्रसार, आनी क्षमता निर्माण करपा खातीर संयुक्त चौकटी तयार करपा खातीर ईएसआयसी आनी आयुष मंत्रालय हांचे मदीं समन्वय पत्राचेर स्वाक्षरी केल्या. हे बसकेंत नवी दिल्लीच्या बसैदरापूरांत दंत म्हाविद्यालय बांदपाक आनी उत्तराखंडांतल्या हरिद्वारांत नवे ईएसआयसी वैजकी म्हाविद्यालय स्थापन करपाक मान्यताय मेळ्ळी

Jal shakti 170

जल शक्तीचे केंद्रीय मंत्री सी आर पाटील हांणी , जल जीवन मिशनान नळाच्या उदकाची  जोडणी कोट्यांनी घरां मेरेन व्हरून गांवगिऱ्या कुटुंबांच्या जिवितांत बदल घडोवन हाडला अशे सांगला . नवी दिल्लींत पिवपाचे  उदक आनी नितळसाण खात्याच्या इनोव्हेशन चॅलेंजाच्या ग्रॅण्ड फायनलींत मार्गदर्शन  करतना तांणी , जल जीवन मिशनाच्या फुडल्या

पांवड्यार  सार्वत्रिक नळाच्या उदकाच्या आस्पावा वांगडाच सुरक्षीत पिवपाच्या उदकाची खात्री करपाचेर भर दिलो. नवनिर्माण करप्यांक तांणी गांवगिऱ्या भारता खातीर परवडपी, प्रमाणीत आनी समुदायाक अनुकूल उपाय तयार करपाक उलो मारला. गांवांनी वाडत वचपी प्लास्टीक कोयराचे उल्लेख करून तांणी आत्मनिर्भर भारत आनी विकसित भारताच्या  दृश्टीकोना खाला उदरनिर्वाहाची संद निर्माण करतना थळाव्या पांवड्यार कोयराचेर प्रक्रिया करपा खातीर उपायांची गरज आसा आनी अर्थवेवस्था वाडोवपाची गरजचेर भर दिलो.

Jk 102

जम्मू-काश्मीरांत वर्सुकी अमरनाथ जी यात्रे खातीर सुमार 55 हजार यात्रेकरुंक सुरक्षीतताय वाडोवप आनी रावपाची सुवात सयत गरजेची सगळी वेवस्था केल्या आनी जम्मूंतल्या भगवती नगर बेस कॅम्पांतल्यान 2 जुलयाक भक्तांचो पयलो गट भायर सरपाचो आसा.

**IMD-WEATHER**

फुडल्या दोन दिसांत दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ आनी पंजाबात दक्षिण अस्तंत पावस आसपाची शक्यताय आसा अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां. गोयांत आयज orange alert जारी केला.

**WOMEN'S T20 WORLD CUP**

आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वकरंद सरतींत  आयज लंडनांतल्या ओव्हलांत वेस्ट इंडीजाक  हारोवन ऑस्ट्रेलियेन फायनलींत प्रवेश केलो.

Partun ekfavt aycho mukhel khabro

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल  नवी दिल्लींतल्या सेवा तीर्थ हांगा जायत्या मंत्रालयांच्या वेगवेगळ्या सचीवां कडेन संवाद सादलो.

* आयज देशभारांत राष्ट्रीय दोतोर दिस आनी सनदी लेखापाल म्हल्यार chartered accountant दिस मनायत्ता

* केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी भारत-ग्रीस अर्थीक संबंद घटमूट करपा विशीं चर्चा केल्या.

* केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री dr मनसुख मांडवीय हांणी नवी दिल्लींत जाल्ले कर्मचारी राज्य विमो म्हामंडळाचे एकशे अठ्यानाव्या बसकेचे अध्यक्षपद सांबालले .

-------------